**प्रधानमंत्री किसान येवजणेच्या लावधारकांक ई-केवायसी करपाची विनंती**

**28** मार्च **2022**

कृशी संचालनालयान गोंय राज्यांतल्या प्रधानमंत्री किसान येवजणेच्या सगळ्यां लावधारकांक कळीत केला की भारत सरकारान प्रधानमंत्री किसान येवजणेच्या लावधारकांखातीर ई-केवायसी अनिवार्य केल्या आनी येवजणेचो फुडलो हप्तो मेळपाखातीर **31** मार्च **2022** मेरेन सगळ्यां पीएम किसान येवजणेच्या लावधारकांनी ई-केवायसी करप आवश्यक आसा.

ई-केवायसी प्रक्रिया पुर्ण करपा खातीर शेतकारांनी पीएम किसान पोर्टल वा आपल्या तालुक्यातल्या लागीच्या गिरायक सेवा केंद्राक भेट दिवची.

चड म्हायती खातीर शेतकारांनी तालुक्यातल्या संबंदीत विभागीय कृशी कार्यालयांत संपर्क करचो.

म्हा **/**सप**/** प्रना**/** विगां**/** 202**2**/204

_

--

**Issued by Department of Information & Publicity**

**Department of Information & Publicity**
**3rd Floor, Udyog Bhavan,**
**Near Azad Maidan, Panaji**